# <u>आयतारा राज्य विज्ञान प्रज्ञासोद परिक्षा</u>

ता. 17 जानेवारी 2025

राज्य शिक्षण संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळा वतीन आयतार ता. 19 जानेवारी 2025 दिसा गोंय राज्यांतल्या 12 तालुका केंद्रांचेर यत्ता आठवी, णववी, धावी, अकरावी आनी बारावेच्या विद्यार्थ्यांखातीर राज्य पावंड्या वयली विज्ञान प्रज्ञासोद परिक्षा 2024-25 घेवपात येतली.

छत्रपती शिवाजी महाराज स्कुल कॉम्पलेक्स, दिवचल; सारस्वत विद्यालय आनी पुरूषोत्तम वालावलकर हायर सेकंडरी स्कुल, खोर्ली म्हापसा-बार्देस; श्री भगवती हायस्कुल आनी सेंट जोसेफ हायस्कुल, पेडणे; अवर लेडी ऑफ लोर्डिस हायस्कुल, वाळपय सत्तरी; रोझरी हायस्कुल, कुजीरा बांबोळी, तिसवाडी; ऐ. जे. आल्मेदा हायस्कुल आनी जीव्हीएम हायर सेकंडरी, फर्मागुडी फोंडे; लॉयला हायस्कुल आनी दामोदर हायर सेकंडरी, मडगांव; युनियन हायस्कुल, सांगे; सरकारी हायर सेकंडरी, काणकोण; सर्वोदय एज्युकेशन सोसायटी हायस्कुल, कुडचडे केपे; व्ही. एस. लाड हायर सेकंडरी, पिळये -धारबांदोडा आनी सेंट. एंड्रयू हायस्कुल, वास्को ह्या केंद्रांचेर परिक्षा जातली.

उमेदवारांनी परिक्षेक येतना वांगडा प्रवेश कार्ड (हॉल तिकेट) हाडचे आनी परिक्षा सुरू जावचे आदी कमीतकमी अर्दवर पयली केंद्राचेर हजर रावपाक जाय. परिक्षा केंद्रात मोबायल आनी स्मार्ट वॉच हाडपाक मेळचे ना. काळे वा निळे बॉलपेन वापरचे.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/64

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.